**<u>स्पीड ब्रेकर घालपाचो आदेश</u>**

ता. 3 जून 2021

उत्तर गोंय जिल्होधिकाऱ्यान म्हापसा नगरपालिका आनी गिरी ग्रामपंचायत वाठारांतल्या विंगड विंगड रस्त्यांचेर हम्प प्रकाराचे स्पिड ब्रेकर घालपाचो आदेश दिला. म्हापसा नगरपालिका प्रभाग-20 त राहुल डिसौझा, राजेश परब, मेलीसा, सुनिल परब, फ्रासिस्को ब्रागांझा आनी मार्था हांच्या घरालागी प्रत्येकी एक, प्रभाग-14 त औदुंबर शिंदे, सारस्वत विद्यालय मैदान, हिंदू मसंडभुंय, कोयर प्रक्रिया प्रकल्प, रूपेश शिंदे हांच्या घरालागी आनी खोर्ली हांगाच्या सरकारी मुळाव्या शाळेलागी प्रत्येकी एक, प्रभाग- 4 त राजू आवाडकर, गौतम महाले, धुळेर हांगा वाळके शॉप, आनंदी अपार्टमेंट, आमांसियो सामकार आनी ग्रीन ग्लेड अपार्टमेंटालागी प्रत्येकी एक, प्रभाग- 5 त डॉ. गौतम हॉस्पिटलालागी दोन, प्रभाग-12 त दत्तवाडी हांगा एचडीएफसी बँकेलागी आनी विनय वर्लेकराच्या घरासामकार प्रत्येकी एक, सेंट. झेव्हियर उच्च माध्यमिक विद्यालयालागी दोन आनी गिरी हांगाच्या अझम्पशन चॅपेलालागी एक हम्प प्रकाराचो स्पिड ब्रेकर घालून वाहन चालकांक फुडें स्पीड ब्रेकर आशिल्ल्याची सुचोवणी दिवपी बोर्ड लावपाचो आदेश दिला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/506

--

Issued by Department of Information & Publicity